१४.०५.२०२६   सकाळी ७.२५ वरा

आकाशवाणी पणजी केंद्र, प्रादेशिक खबरा विभाग

प्रादेशिक खबरो

गोंयांत पेट्रोलाचो उणाव ना अशें गोवा पेट्रोल डिलर्स असोसिएशन संघटनेन पत्रकार परीशद घेंवन स्पश्ट केला.गोयांत इंधनाचो मुबलक साठो आसा अशी म्हायती ह्यावेळार संघटनेचे अध्यक्ष नरहर ठाकुर हांणी दील्या. गोंयात दर सप्तकांत नेमान पेट्रोल टँकर येवपाक लागल्यात. पेट्रोलाच्या दरांत उतार-चढाव हे वीशी आजुनतरी कांय आदेश येंवक ना अशे तांणी म्हळा.

सांकवाळच्या बिट्स पिलानी हे शैक्षणिक संस्थेत शिकपी आनीक एका विद्यार्थ्यान आत्महत्या करपाची घडणूक उक्ताडार आयल्या. हे खबरेची दक्षिण गोंय जिल्हो समितीन दखल घेवन तेविशीं चवकशी सुरु केल्या. दक्षिण गोंयची जिल्होधिकारी आनी ह्या जिल्हो समितीच्यो अध्यक्ष एग्ना क्लिटस हांणी पत्रकारांक ही म्हायती दिली. ह्या विद्यार्थ्याच्या कुडीचे पोस्टमार्टेम जाले उपरांत हेविशी अदिक म्हायती मेळप शक्य आसा अशें तांणी सांगलें. काल सकाळी वेर्णा पोलिसाक ह्या आत्महत्या प्रकरणाची म्हायती मेळ्ळ्या उपरांत तांणी घडणुकेच्या जाग्यार वचून मुळावी चवकशी सुरु केल्या. जिल्हो समितीच्या वांगड्यांनी ह्या सुवातेर वचून काल पळोवणी केली. बिट्स शिक्षण संस्थेत शिकपी विद्यार्थ्याक मानसिक भलायकीविशी आदार मेळचो ह्याखातीर फावो ते उपाय घेतल्यात. तरीय आत्महत्या कित्याक जातात हेविशीं समिती चवकशी करतले अशें तांणी सांगलें. इतले मजगती, साश्ट तालुक्यातल्या एका गावात एका बारावेची परीक्षा दिल्ल्या १७ वर्सांच्या विद्यार्थ्यान आत्महत्या केल्ल्याची कागाळ मायणा कुडतरी पोलिसात नोंद जाल्या हेविशी पुलीस चवकशी करतात अशी म्हायती मायणा कुडतरी पोलीस स्टेशनाचे निरीक्षक कपील नायक हांणी दिल्या.

येत्या शैक्षणीक वर्सा खातीर सरकारी महाविद्यालयांनी कंत्राटी आनी व्याख्याते तत्वाचेर २६५ पदां भरतले. साहाय्यक प्राध्यापक, समुपदेशक, ग्रंथपाल पदां खातीर उमेदवारां कडल्यान अर्ज मागोवपी जायरात जारी जाल्या.सरकारी महाविद्यालय सांखळे, सरकारी महाविद्यालय खांडोळा, सरकारी महाविद्यालय केपें, संत सोहिरोबानाथ आंबिये सरकारी महाविद्यालय विर्नोडा, सरकारी महाविद्यालय मडगांव, गृहविज्ञान महाविद्यालय कांपाल आनी संगीत महाविद्यालय आल्तिनो या महाविद्यालयांत ही पदां भरतले.
बायोटेक्नोलॉजी, बॉटनी, बिझनेस लॉ, ऑर्गेनिक केमिस्ट्री, इनऑर्गेनिक केमिस्ट्री, कॉमर्स, कॉम्प्युटर सायन्स, इकोनॉमिक्स, इलेक्ट्रॉनिक्स, इंग्लिश, हिंदी, जॉग्राफी, जीओलॉजी, हिस्ट्री, कोंकणी, मराठी, मॅथेमेटिक्स, मायक्रोबायोलॉजी, मॅनेजमेंट, फिजिक्स, पॉलिटिकल सायन्स, सायकोलॉजी, सोशिओलॉजी, स्पोर्टस सायन्स, झुओलॉजी, फूड न्युट्रिशन, टेक्स्टाईल ऍण्ड क्लोथिंग, ह्युमन डेव्हलपमेंट, तबला, हार्मोनियम, वोकल, थिएटर आर्टस, लायब्ररियन, शारीरिक शिक्षण संचालक, महाविद्यालय समुपदेशक अशीं हीं पदां आसात.

वाळपयच्या कम्युनिटी हेल्थ सेंटरांत जाल्ल्या कथीत वैजकी घाळपणाक लागून पांय वगडायिल्ल्या सत्तरीच्या ११ वर्सांच्या भुरग्याच्या कुटुंबियांक, भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी आपल्या वैयक्तीक ट्रस्टा वतीन २५ लाख रुपयांची अर्थीक मजत जाहीर केल्या.

ही घडणूक दुर्दैवी आसा आनी फुडें अशीं घडणूक जावंची न्हय म्हूण सरकारान सगळ्या सरकारी हॉस्पिटलांची तपासणी करपा खातीर आनी खर वैजकी नेम तयार करपाखातीर भलायकी सचिव, भलायकी सेवा संचालक, भलायकी विभागाचे सल्लागार

फ्रेझेला अरौजो आनी हेर अधिकाऱ्यांचो आसपाव आशिल्ली एक समिती स्थापन केल्या, अशें भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी सांगलें.

'पंडित योगराज नायक प्रतिष्ठान', कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या सहकारयान , सरगेस्त पंडित योगराज नायक हांकां संगीतात्मक श्रद्धांजली कार्यावळ 'स्वरयोगी 2026' घडोवन हाडल्या .ही कार्यावळ आयज सांजे ६:०० वरांचेर पणजी पाट्यार कला आनी संस्कृती विभागांच्या 'संस्कृती भवनांत जातली. मुखेल सोयरे गोंय राज्य जैव विविधताय मंडळाचे वांगडी सचीव डॉ.प्रदीप सरमोकादम आनी कला आनी संस्कृती विभागाचे संचालक, विवेक नायक आसतले.

ही आसा एक कळोवणी

आकाशवाणी पणजी केंद्राचा खबरा विभागा वरवी 'खबरा वाचक तशेच अणकारक पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें. पिराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं आसची. अर्ज करपाची निमणी तारीख 17 मे २०२६ आसा. कोंकणी भाशेचें गिन्यान , तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब आसचें. प्रसारणाखातीर आवाज योग्य आसपाक जाय. इत्सूक उमेदवारांनी आपलो अर्ज 'हेड ऑफ आर एन यू, आकाशवाणी पणजी, आल्तिन्हो, पणजी , गोवा - 403001 हांगा सादर करचो. अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.

हवामान खात्याच्या अदमासा प्रमाण कालसावन 18 मे मेरेन गोंयांत उश्ण आनी दमट हवामानाची परिस्थिती चालूच उरपाची शक्यताय आसा.